21st June 2026 7.25am

Yoga CM Goa – 120

योगा मानसिक संतुलन आनी बरी भलायकी दिता. योगात, मनशांमदी शिस्त हाडपाची ताक आसा. गोंय सरकारान प्राचीन योग पद्दत तशेचं आर्युवेदाचो प्रसार करपाक वेगवेगळे उपक्रम सुरु केल्यात, अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. योग दरेका घरात, शाळेत, ऑफीसात, करपाक जाय, अशे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी म्हणला. ते 12व्या योग दिसाच्य कार्यावळीत उलयताले. 12व्या आंतरारश्ट्रीय योग दिसाची कार्यावळ ताळगांव श्यामाप्रसाद मुखर्जी स्टेचीयमात आयज जाली. योगा 'फोर हेल्थी एजिंग' ह्या संक्लपनेचेर अंदुचो योग दिस संसारभर मनयतात. गोय खेळा खाते आनी गोंय खेळा आनी युवा वेव्हार प्राधिकारणाच्या जोडपालवान योग दिसाची कार्यावळ आयोजित केली. ह्यावेळार Common yoga protocol ह्या पुस्तिकेचे मानेस्तांच्या हस्तुकी उक्तावण जाले. श्यामाप्रसाद मुखर्जी स्टेडीयमात जाल्लय ह्या योग दिसाच्या कार्यावळीत शाळांचे विद्यार्थी, शिक्षक, सरकारी कर्मचारी, तशेच योग शिकोवपी संस्था, आनी नागरीकांनी वाटो घेतिल्लो.

रश्मी - राज्य कार्यकिरीणीची

केंद्रीय म्हायती आनी प्रसारण राज्यमंत्री L. Murgan हांच्या अध्यक्षतायेखाला, भाजपा राज्य कार्यकिरीणीची बसका काल पणजेत जाली. ह्यावेळार मंत्री मुरगन हांणी गोंय भाजपाच्या, उदरगतीच्या कामाचो नियाळ घेतलो. केंद्र सरकाराच्यो येवजण्यो नागरीकांमुखार पावयात, चाळीसुय मतदारसंघात भाजपाचे संघटन घटमुट करात, तशेंच 2027 च्या विधानसभा वेंचणुकेत, भौवमतान भाजपाचे सरकार वेचून हाडपाक काम करात, अशे मंत्री एल मुरगन हांणी भाजपाच्या कार्यकर्त्यांकडे मागले. भाजपा सगल्या 40 मतदारसंघांनी आपली संघटना, घटमूट करपाक लागल्या. आमी सगल्या 40 मतदारसंघांनी लढो दितले. युतीचो निर्णय हाय-कमांड योग्य वेळार घेतले. सुमार 10 मतदारसंघ आसात जंय आमची संघटना, आनीक घटमूट करपाची गरज आसा, आनी तें जातलें. 2027 वर्सा 30 सुवातो जिखपाचो आमकां विस्वास आसा, अशे गोंय भाजपा प्रदेश अध्यक्ष दामोदर नायक हांणी सांगले.

ह्या बसकेउपरांत घेतील्ल्या पत्रकार परीशदे वेळार ते उलयताले. ह्यावेळार अक्षय उर्जा राज्य मंत्री श्रीपाद नायक, राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे, पक्षाचे फुडारी सिद्धार्थ कुंकळकार,

सर्वानंद भगत तशेच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले. उत्तर आनी दक्षीण गोंयासयत कुशावती जिल्हयात, भाजप संघटन घटमुट करपाचेर भर दीवपाचो निर्णय, हेवेळार जाला.

Dr Padma Gurmet -

डॉ. पद्म गुरमेट हे भारताच्या आयुष मंत्रालयांतर्गत आशिल्या 'नॅशनल इन्स्टिटट्यूट ऑफ सोवा-रिग्पा'चे संस्थापक संचालक आसात. डॉ. गुरमेट हाणी सोवा-रिग्पा पद्धतीक आयुष मंत्रालयाच्या कक्षेत हाडुन, एका संशोधन संस्थेची उभारणी करपाक आणि हिमालयातल्या या उपचार पद्धती खातीर, भारताच्या वतीन युनेस्कोकडे नामांकन सादर करपाच्या प्रक्रियेचे फुडारपण करपाक, महत्त्वाची भूमिका साकारला. हे पारंपारीक पद्धतीचो साबाळ करपाच्या वावराक लागुन, तांका हे वर्साचो भारताचो सर्वोच्य नागरी भौमान, पदमश्री फाव जाला.

DIP - 'री-नीट'

आयज जावपी 'री-नीट' परीक्षे खातीर गोंय सरकार पुराय तरेन सज्ज जालां. दक्षिण गोंयचे जिल्हाधिकारी एग्ना क्लीट्स हांणी परीक्षेच्या तयारीचो नियाळ घेतलो. परीक्षेच्या दिसा उमेदवारांक कसलोच त्रास जावचो न्हय, हे खातीर जिल्हा प्रशासनान जायतीं पावलां उखलल्यांत. कदंबा वाहतूक महामंडळान, वेगवेगळ्या परीक्षा केंद्रांचेर विध्यांर्थ्यांखातीर कदंबा बस सेवेची व्यवस्था केल्या. विध्यांर्थ्यांक वेळेर पावपाक मदत जावची , म्हण ही बस सेवा सकाळी ९.३० वरा सावन सुरु जातली.

संगीत दिन - राजेश

जागतिक संगीत दिना अंतर्गत, साखळीच्या रवींद्र भवनान आयज २१ जून दिसा, नामनेची गायिका सर्गेस्त आशा भोसले हांच्या उडगासान, लाईव्ह ऑर्केस्ट्रा ही कार्यावळ आयोजित केल्या. रविंद्र भवन साखळी हाणीं आयोजित केली ही कार्यावळ, आयज सांजे सात वरांचेर रवींद्र भवनाच्या, मुखेल सभाघरात जातली. हे कार्यवळीत गोंयचे नामनेचे वेंचिक गायक, सर्गेस्त आशा भोसले हांची गीता सादर करतले. हे कार्यवळीत रसिकांनी व्हडा संखेन हजर रावचें, अशें आवाहन साखळी रवींद्र भवनान केला.

वेदर

गोंय वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, राज्यात चडान चड तापमान 34 अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 27 अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.

आणि इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे, मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले आयज सांजे ७ जावन २० मिनटांचेर, नमस्कार